
# मदर तेरेझा

कैंडिस रैनसम

चित्र : ऐलेन वेरस्ट्रेट

कोंकणी अणकार : मुकेश थळी



# मदर तेरेज़ा







## स्कोप्जे, अल्बानिया 1919

जेन्ना मदर तेरेझा चली आशिल्ली तेन्ना ताचें नांव एग्नीस बोजाक्सीयू आशिल्लें. एग्नीसाक बाजाराचो दीस आवडटालो. ती आपली आवय - ड्राना फाटल्यान बाजारभर भोंवताली.

बाजारांत फळांच्यो, भाज्यांच्यो राशी आसताल्यो. फातरांच्या रस्त्यांचेर मातयेचीं आयदनां विकताले. एग्नीसान आपले आवयक खरेदी करतना पळयली. ड्राना केन्नाच एक पयसो लेगीत गरजे भायर खर्च करिनाशिल्ली.

तें वर्स बरेंच कठीण गेलें. एग्नीसाचो बापूय भायर पडलो. णव वर्सां पिरायेच्या एग्नीसाक बापायची याद येवंक लागली. बापूय तिका कळी म्हणटालो. तिची भयण एज आनी भाव लाजार हांकांय बापायची खूब याद येताली. एग्नीसाचो बापूय पयशेकार वेपारी आशिल्लो. बापायचें छत्र नाशिल्ल्यान बोजाक्सीयु कुटुंब गरीब जालें.

मागीर ड्रानान एक दुकान उक्तें केलें.

तिणें कपडे विणून विकपाक सुरवात केली.

लग्नाचे भेस आनी उत्सवांचे कपडे तिणें शिंवपाक सुरवात केली.




घराच्या दारार कोणें तरी खटखटायलें.  थंय एक गरीब बायल उबी आशिल्ली. ड्रानान ते बायलेक रातीचें जेवण जेवपाक आपयली.



मागीर ते बायलेन एग्नीस, एज, लाजार, आनी आवय वांगडा मेजा कडेन बसून जेवण घेतलें.

एग्नीसाक दिसलें, ती बायल सोयऱ्यां भितरली आसतली. पूण ती बायल सामकी अनवळखी आशिल्ली.

भुकेल्ल्या अनवळखी लोकांक सदांच मजत करूंक जाय अशें ड्रानान एग्नीसाक सांगलें.



जेन्ना एक शेजान्न दुयेंत जाली तेन्ना एग्नीस आनी तिची आवय दुयेंतीची जतनाय घेवपाक गेलीं.

तांणी तिका दोन खेपे न्हाणयली आनी जेवणखाण दिलें.

एक विधवा आशिल्ली, स भुरग्यांची आवय, तिकाय तांणी मजत केली. ड्रानाक काम करपाचें आसतालें तेन्ना एग्नीस स्वता एकलीच वताली.

आपल्या आवय भशेन एग्नीसाक दुसऱ्यांक मजत करपाचेर विश्वास आशिल्लो.







## स्कोप्जे, अल्बानिया 1922

बारा वर्सांच्या एग्नीसान खोशयेन आवाज सुरार लायलो. तिका इगर्जेच्या संगीत पंगडांत गावपाक आवडटालें. देखून तिका लाजार चाळयतालो.

ती घराचे तुळेन सॅक्रेड हार्ट चर्चींत चड वेळ सारूंक लागली.

एग्नीस सॅक्रेड हार्ट स्कूलांत शिकपाक गेली. लाजार आनी एज थंयच शिकतालीं. एग्नीस एक शांत विद्यार्थिनी आशिल्ली. एग्नीसाक आपले आवय वांगडा इगर्जेंत काम करपाक आवडटालें.

ती सणां वेळार फुलां हाडटाली. उत्सव आसताले तेन्ना बनेरां आनी बावटे लायताली.

एग्नीस खूश आसताली, पूण तिची भलायकी बरी उरनासली.

तिका परत परत खांक, जोर येवप हे त्रास जाताले.

कुडकुड्याचें शीं तिचे भलायके खातीर बरें नाशिल्लें. हे खातीर गिमाच्या दिसांनी तिचें कुटुंब दोंगरार वतालें.

दोंगरा वयली ताजी हवा आनी निवळ प्रवाही झरे बरे आशिल्ले.

दोंगरार, एग्नीस लॉरॅटोच्या मॅडोना इगर्जेंत प्रार्थना करताली.

थंय ती आनी एज दोगांय पयस पयस पासयेक वतालीं.

राती कडेन उज्या धगा कुशीक बसून तीं काणयो आयकतालीं.

ह्या भोंवड्यां वेळार एग्नीस सगळ्यांत खूश आसताली.



गिमांत एग्नीसाची पिराय 12 वर्सांची आशिल्ली, तेन्ना एक गजाल घडली.

एग्नीस, मॅडोनाच्या पुतळ्या कडेन आयली.

तिणें मेणवात पेटयली आनी प्रार्थना केली.

जेन्ना ती प्रार्थना करताली तेन्ना तिणें एक आवाज आयकलो.

त्या आवाजान तिका देवाचें अनुसरण करपाक आनी दुसऱ्यांची सेवा करपाक सांगलें.

देव तिचे कडेन उलयल्लो.

एग्नीसाक कळ्ळें, मुखार कितें करप तें.

तिणें गरिबांची मजत करपाचें आशिल्लें.

आपली जीण चर्चीक ओंपप आनी माद्री जावप हें तिणें थारायलें.





**कलकत्ता, भारत 1931**

सिस्टर तेरेझा आपल्या वर्गांत उबी आशिल्ली.

तिचें नांव आतां एग्नीस उरूंक नाशिल्लें.

वर्सांचीं वर्सां तिणें माद्री जावपाचें प्रशिक्षण घेतिल्लें.

त्या वसंतांत, तिणें आपलो पयलो सोपूत घेतिल्लो.

तिणें खूब कितें त्याग करपाचो हावेस बाळगिल्लो.

कॉन्वॅण्टाच्या वणटीं भितर रावन तिणें काम करूंक जाय.

तिका चड काम करूंक मेळनासलें. तिका लग्न जावंक मेळनासलें.

जेन्ना एग्नीस माद्री जाली, तेन्ना तिणें एक नांव घेतलें.

तिणें स्वता खातीर सेंट तेरेझा हें नांव घेतलें.

त्या दिसा सावन ती सिस्टर तेरेझा जाली.

सिस्टेर तेरेझा, लोरेटो कॉन्वॅण्ट स्कूलांत शिकोवन बरीच खूश आशिल्ली.

तिणें जनेला भायर आयस पयस पाचव्या हिरवळीचेर पळयलें.

थंय सगळें शांत आशिल्लें. खावपाकूय जाय तितलें.

मात लॉरेटोच्या वणटीं भायली जीण शांतीमय नाशिल्ली.

लॉरेटो कॉन्वॅण्ट कलकत्तांत आशिल्लें, ज्या शाराक पालासींचें शार म्हूण वळखताले.

कलकत्तांत अजापांच्यो गजाली आशिल्ल्यो.

कलकत्तांत गर्देच्यो, बुरश्यो सुवातो आशिल्ल्यो जांकां झोंपडपट्टी म्हणटाले.


ह्या बुरश्या वसणुकांनी गरीब लोक रावताले.

भुरगीं पिंजकरे कपडे घालतालीं आनी कोयरांतल्यान अन्न काडून खातालीं.

सिस्टर तेरेझा एका गरीब देशांत माद्री जाल्ली.

तिणें देवाच्या उल्याक ओ दिल्लो.

पूण कितें तरी चुकतालें.



स वर्सां उपरांत, सिस्टर तेरेझान आपलो निमणो सोपूत घेतलो.

तिणें गरीब रावपाचें थारायलें.

तिणें देवाची आज्ञा पाळपाचें थारायलें.

ती रोखडीच लॉरिटो स्कूलाची प्राचार्य जाली.

300 चलयो तिचे देखरेखी खाला आशिल्ल्यो.

जेन्ना भारतांत झूज सुरू जालें, तेन्ना सिस्टर तेरेझा हुस्क्यांत पडली.

खाणा जेवणाचो बरोच उणाव आशिल्लो.


गल्लींनी गुळयांचे फार घुमपाक लागले.

रणगाड्यांचो गडगडाट सुरू जालो.

दंग्यांतल्यान वाटावपा खातीर लोक, कॉन्वॅण्टाच्या वणटींचेर चडले.

सिस्टर तेरेझान तांची मजत केली.





लॉरेटोंत चड करून जेवण ट्रकान हाडटाले.

पूण तांकां दंग्यांतल्यान वाट काडप जमलें ना.

स्कूलांत अन्न नाशिल्लें.

खूब वर्सां उपरांत पयलेच खेप सिस्टर तेरेझा लॉरेटोच्या चार वणटीं भायर गेली.

तिका जळींमळीं जखमी वा मरण आयिल्ले लोक दिसले.

तिणें रस्त्यांचेर रावपी गरिबांक पळयले.

तेन्नाच तिका तांदळांचो साक घेवन वचपी एक जीप दिसली.

एका शिपायान तिका आडावपाचो यत्न केलो.

अखेरेक सिस्टर तेरेझाक तांदूळ मेळ्ळो.

लॉरेटोंत सुरक्षीत परत येवन लेगीत ती चार वणटीं भायली स्थिती विसरूंक शकली ना.

## उदेंत भारत, 10 सप्टेंबर, 1946

एका म्हयन्या उपरांत, सिस्टर तेरेझा एका रेलगाडयेंत बसली.

ती कलकत्ताची गरमी आनी झोंपडपट्टे पसून पयस दोंगरांचेर वताली.

ताजे हवेन तिका मातसो विसव मेळ्ळो. गाडयेच्या चक्रांचो घसक घसक आवाज येतालो. तिणें प्रार्थना केली.

त्या आवाजां पेल्यान तिका आनीक एक आवाज आयकूंक आयलो.

देवान तिका लॉरॅटो सोडपाक सांगलें. तिणें झोंपडपट्टेंत वचून सेवा करची ही देवाची इत्सा आशिल्ली.



सिस्टर तेरेझा अजापीत जाली.

परत देव आपणा कडेन उलयत अशें तिका दिसूंक नाशिल्लें.

पूण आपणें थेट गरिबां वांगडा वावरूंक जाय हें तिणें जाणलें.

तें काम तिणें पयलींच करूंक नाशिल्लें.

कलकत्तांत परत येवन सिस्टर तेरेझान कॉन्वॅण्ट सोडपाची तयारी केली.

तांकां निरोप दिवप सोंपें नाशिल्लें. सिस्टर तेरेझान त्या कॉन्वॅण्टांत 20 वर्सां काडिल्लीं.

तिका थंय शिकोवपाक आवडटालें.

पूण तिका देवाच्या आज्ञेचें पालन करूंक जाय आशिल्लें.






सिस्टर तेरेझान फकत कांय नाण्यां सयत, लॉरेटोच्यो सुरक्षीत वणटी सोडल्यो.

माद्रीचो गणभेस आतां तिचे खातीर खूब गरम आशिल्लो.

ते खातीर तिणें एक साडी विकत घेतली, जी भारतीय बायलांच्या भेसा सारकी आशिल्ली.

ती सुती कपड्याची आशिल्ली आनी ताचेर तीन निळे पटे आशिल्ले.

तिणें साडी चारूय वटांनी रेवडायली आनी आपल्या दाव्या खांदार एक क्रॉस पीन केलो.

तिका वैजकी सेवा प्रशिक्षणाची गरज आशिल्ली. रस्त्यांचेर खूब लोक दुयेंत आशिल्ले. तांकां वैजकी सेवेची गरज आशिल्ली.

ते खातीर मदर तेरेझा त्या माद्रीं कडेन गेली जीं उपचार सेवा दिवंक जाणटालीं.

तिणें प्राथमीक उपचार शिकून घेतले.

तिणें शस्त्रक्रिया कश्यो जातात त्यो पळेल्यो.

तिणें गुरवार बायलांक तांच्या बाळंटेरांत मजत केली. आपूण गरिबांतल्या गरिबांची सेवा करूंक आंवडेतां अशें सिस्टर तेरेझान नर्सींक सांगलें.

आतां सावन ती गरिबां वांगडाच रावतली.

ती गरिबां सारकीच जेवतली - फक्त तांदूळ.

पूण एके माद्रीन सिस्टर तेरेझाक स्वता घटमूट रावपाची सुचोवणी केली.

तिणें वेवस्थीत खाणजेवण घेवचें, फाव तो विसव घेवचो आनी निवळ रावचें.

तेन्नाच तिका गरिबांची मजत करपाक बळ आनी शक्त येतली. सिस्टर तेरेझाक त्या माद्रीची गजाल खरी दिसली.





**कलकत्ता, भारत, 1948**

लॉरॅटो स्कूला लागसार मोती झील नांवाची एक झोंपडपट्टी आशिल्ली.

मात ही वसणूक आपल्या नांवा भशेन सुंदर नाशिल्ली.

थंय लोक मातयेची फरशी आशिल्ल्या खोपींनी रावताले.

लोक एका म्हेळ्या तळयाचें उदक पियेताले आनी थंयच न्हाताले.

धवे फुल्ल साडयेंत ल्हान माद्री ते बुरशे वसणुकेंत गेली.

तिणें सगळयांत पयलीं कितें करूंक जाय?

सिस्टर तेरेझा एक शिक्षिका आशिल्ली.

हे खातीर सगळ्यांत पयलीं तिणें एक स्कूल सुरू केलें.

सिस्टर तेरेझान एका झाडा पोंदा भुरग्यांक एकठांय केलीं.

तिणें लांकडाची बडी घेवन मातयेंत अक्षरां बरयलीं.


दुसऱ्या दिसा तिका एकल्यान खुर्ची हाडून दिली.

मागीर कोणें मेज दिलें.

भुरगीं सिस्टर तेरेझाच्या उकत्या स्कुलांत शिकपाक येवपाक लागलीं.








सिस्टर तेरेझा दर दिसा झोंपड्यांनी वताली.

लोक आपली मजत मुजरत करतले ही विश्वास तिका आशिल्लो.

एक दीस, तिका गरिबां खातीर वखदाची गरज लागली.

सिस्टर तेरेझा एका वखदांच्या दुकानाचेर गेली.

फार्मासवाल्यान फुकट दिवपाक मनाय केली.

सिस्टर तेरेझा पुराय दीस ताच्या दुकाना मुखार बसून रावली. दुकान बंद जातकच फार्मासवाल्यान तिका तिचे वळेरेंतलीं सगळीं वखदां दिलीं.

रोखडेच तिचे दोन आदले विद्यार्थी तिका जोडले.

शाळे खातीर तिणें एक खोंप भाड्याचेर घेतली.

सिस्टर तेरेझान आपलो स्वताचो पंगड, माद्रींचो पंगड सुरू केलो.

ताका मिशनरीज ऑफ चॅरिटी म्हणटाले.

आपल्या स्वताच्या पंगडाच्या मुखेलपणाच्या रुपांत ती आतां मदर तेरेझा जाली.

1953त मदर तेरेझा आनी तांची एक माद्री एका व्हडल्या घरांत रावपाक गेलीं.

ताका नांव दवरलें - मदर हावज.

सगळ्यो सिस्टरी सकाळीं 4.45 वरांचेर उठ्ठाल्यो.

उपरांत तीं घरांत नितळसाण करतालीं.


सकाळीं आठ ते साडेबारा मेरेन सिस्टरी बुरशे वसणुकेंत काम करतालीं.

तीं दनपारचें जेवण आनी विसवा खातीर मदर हावजांत परत येतालीं.


मागीर तीं परत वतालीं आनी सांजे 7.30 मेरेन काम करतालीं.

न्हिदचे आदीं तीं रातीचें जेवतालीं आनी प्रार्थना करतालीं.

तांचो दीस म्हळयार कामान भरिल्लो व्यस्त दीस थारतालो. मदर तेरेझा सबंद दीस काम करताली, ती रातीं उसरां मेरेन लेगीत आनीक काम करताली.



एक दीस मदर तेरेझाक गटारांत मरण आयिल्ले अवस्थेंतली एक बायल मेळ्ळी. मदरीन ते बायलेक हॉस्पिटलांत व्हेली. पूण हॉस्पिटलान तिका घेतलिना. मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो खूब आशिल्लो, अशें हॉस्पिटलवाल्यांनी सांगलें.



झोंपडपट्टेंतल्या भुरग्यां कडेन स्कुलां आशिल्लीं, पूण दुयेंत लोक अजुनूय रस्त्यांचेर मरताले. मरतल्याक प्रेम आनी बरी वागणूक कित्याक मेळना? हे खातीर मदर तेरेझान निर्मल हृदय नांवाचें एक घर उगडलें. आतां लोक एकोडे मरचे नात, कोण तरी तांची जतनाय घेतलो.



तिचो दीस लांब आसतालो. पूण मदर तेरेझा कडेन सदांच दुयेंतींची सेवा करपाक वेळ आसतालो. तिचे कडेन प्रार्थना करपाचो आनीक एक वेळ आसतालो. तिका भुरगीं आनी जाणटे हांचें प्रेम आशिल्लें. तिका दुयेंती आनी मरण येता तांचे विशीं प्रेम आशिल्लें. ती सगळयांत गरीब लोकांचेर प्रेम करताली. मदर तेरेझा एक आगळीवेगळी मनीस आशिल्ली. तिका जण एकल्या विशीं आदर आशिल्लो.



# निमाणीं उतरां

1979 वर्सा मदर तेरेझाक नोबेल शांती पुरस्कार मेळ्ळो. मदर तेरेझान सादी साडी न्हेसून गरिबांच्या हितांत तो पुरस्कार घेतलो. आपल्या भोवमाना खातीर आयोजीत केल्ली मेजवानी तिणें न्हयकारली. तो पयसो तिणें मिशनरीज ऑफ चॅरिटी खातीर धाडपाची सुचोवणी केली. तिची प्रसिद्धी जशी जशी वाडत गेली, तशे तशे तिचे प्रकल्प वाडत गेले. तिणें जगभर मिशनरीज ऑफ चॅरिटी हावज उकते केले.

1997त एक सप्टेंबराक सांजे मदर हावजांत घांटी वाजल्यो. हजारांनी दुख्खी लोक थंय जमले. 87 वर्सांची मदर तेरेझा संवसाराक अंतरिल्ली.

तिचें काम सुरूच आसा. 126 देशांनी मिशनरीज ऑफ चॅरिटी हावजांत 4500 परस चड वावुरपी काम करीत आसात. गरिबांक आनी दुयेंतींक सदांच मजत आनी सांबाळ करपी लोक आसतले.



## म्हत्वाच्यो घडणुको

1910-26 ऑगस्ट, एग्नीस बोजक्सीयुचो जल्म स्कोप्जे, अल्बेनियांत जालो.

1919 - एग्नीसाच्या बापायक मरण

1922 - एग्नीसाक देवाची पयली आज्ञा जाली

1928 - एग्नीस ऑर्डर ऑफ द सिस्टर्स ऑफ लॉरॅटोंत वांटो घेवपाक आयर्लंडांत गेली.

1929 - एग्नीस भारतांतल्या कोलकातांत पावली.

1981 - एग्नीसान माद्री म्हूण पयलो सोपूत घेतलो आनी सिस्टर तेरेझा नांव घेतलें.

1937 - सिस्टर तेरेझान आपलो निमणो सोपूत घेतलो

1946 - सिस्टर तेरेझाक देवाची दुसरी आज्ञा जाली

1948 - सिस्टर तेरेझान लॉरॅटो कॉन्व्हेन्ट सोडलें.

1950 - मिशनरीज ऑफ चॅरिटी घडली आनी सिस्टर तेरेझा जाली मदर तेरेझा.

1952 - मदर तेरेझान निर्मल हृदय संस्थेची स्थापणूक केली.

1979 - मदर तेरेझाक नोबेल शांती पुरस्कार फाव जालो.

1997, 6 सप्टेंबर, मदर तेरेझा कलकत्ताच्या मदर हावजांत निमणो स्वास घेतलो.

## समाप्त